आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

Date : 06/08/2025 6.30 PM

30

भारत-फिलिपीन्स भागीदारी फकत दोनूय देशांतल्या लोकांक फायद्याची न्हय, तर ह्या वाठारांत शांतताय, स्थिरताय आनी समृध्दी खातीर महत्वाची आसा, अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. भारत-फिलिपीन्स द्विपक्षीय संबंदविशी ताणी सांगले ( ब्यतेस २१ सेक)

७५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींत कर्तव पथाचेर बांदिल्ल्या कर्तव भवनाचें उक्तावण केलें. कर्तव्य भवन हें दरेक व्यक्तीची सेवा करपा खातीर सरकाराच्या वचनबद्धतेचें आनी सतत यत्नांचे प्रतीक आसा अशे सोशल मिडिया पोस्टां वरवी ताणी म्हणला . मजगतीं, प्रधानमंत्री ह्या निमतान सांजें 6:30 वरांचेर जावपी कार्यावळींत ऊपोवप करतले.

इतले मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत आयसीएआर पुसात एम.स्वामीनाथन शती आंतरराष्ट्रीय परिशदेचे उक्तावण करतले. ह्यावेळार ते सभेक संबोधीत करतले आनी अन्न आनी शांतताये खातीर पयलो एम.एस. स्वामिनाथन पुरस्कार भेतटयतले .

९०

विरोधकांनी वेगवेगळ्या विशयांचेर केल्ल्या बोवाळाक लागून संसदेच्या दोनूय सभाघरांचे कामकाज पयली दनपारां 2:00 मेरेन उपरांत दिसभराखातीर स्थगीत केले. केंद्रीय जहाज येरादारी आनी उदका मार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी दर्या येरादारी विधेयक, 2025 लोकसभेंत मांडलें. हाचे आदीं सकाळीं 11 वरांचेर लोकसभेची कार्यवाही सुरू जाली तेन्ना सभापती ओम बिर्ला हाणी हिरोशिमा दिसा निमतान 1945 वर्सा जपानांत जाल्या अणुबाँब हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्यांक आर्गा ओपली (ब्यतेस २५ सेक) .राज्यसभेत अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी 2025-26 वर्साखातीर मणिपूर राज्याचो अदमास खर्च आनी उत्पन्नचे निवेदन सादर केले.तशेच आदले वांगदी आनी राज्यपाल सरगेस्त सत्यपाल मलिक हांकां श्रद्धांजली दिली.

५०

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल फाल्यां मॉस्कोंत रशियन वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेवन भारत-रशिया संरक्षण आनी सुरक्षा सहकार्याचेर चर्चा करतले. तशेच संरक्षण उद्देगाच्या सहकार्याचेरुय उलोवणी जाव पाची शक्यताय आसा . अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी रशिये कडल्यान तेल विकतें घेतिल्ल्यान भारतीय वस्तूंचेर शुल्क 25 टक्क्यांनी वाडोवपाची धमकी दिल्ल्याचे फाटभुंयेर ही बसका जाता

५५

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या चलन धोरण समितीन आयज रेपो दर 5पूज्य5 टक्क्यांचेर दवरपाचो निर्णय घेतला . ताका लागून स्थायी ठेव सुविधा दर 5पूज्य 25% आनी किमान स्थायी सुविधा दर आनी बँक दर 5.75% उरतलो. भारतीय आयातीचेर अमेरिकेन शुल्क घाल्लें तरी  लेगीत ह्या वितीय वर्साखातीर जीडीपी वाड 6पूज्य 5 टक्क्य जाल्यार चलनवाड 3पूज्य 1% आसतली असो अदमास रिझर्व्ह बँकेन उक्तायल

५५

आसामचे मुख्यमंत्री डॉ. हिमंता बिस्वा सर्मा हांणी आयज गुवाहाटीत  मुख्यमंत्री निजुत मोइना २.० येवजण चालिक लायली .  शाळा सोडपाचें प्रमाण उणें करपाक आनी उच्च शिक्षणाक चालना दिवपाक अर्थीक मजत दिवन चलयांक सशक्त करपाचो हे येवजणेचो हेत आसा. सगळ्या कुटुंबांतल्या चलयो हे येवजणे खातीर पात्र आसात. ह्या अर्थीक वर्सा चार लाखां परस चड चलयांक हे येवजणेचो लाव जातलो

५०

उत्तराखंडांतल्या धराली वाठारांत काल आयिल्या हुवारा उपरांत मदत आनी बचाव कार्य झुजा पांवड्यार चालू आसात. भारतीय सैन्य, एनडीआरएफ, एसडीआरएफ, जिल्लो प्रशासन सक्रीयपणान वावुरतात. आतां मेरेन 130 परस चड लोकांक सुरक्षीत सुवातेर स्थलांतरीत केल्यात. मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उत्तराखंडाच्या मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी वांगडा उलोवून मजत आनी बचाव कार्यावळी विशीं नियाळ घेतलो. (ब्य्तेस २८     सेक )

गोयात फाटल्या कांय दिसां सावन उण्या जाल्या पावसान काल रातीं सावन परतून नेट धरला . उत्तर गोंयांत खास करून मापुसा शार आनी पेडणें म्हलात चड पावस पडलो.

मजगतीं, हवामान खात्यान गोयात  आयज आनी फाल्यां चड पावसाखातीर येलो अलर्ट जारी केला.

बुध्दिबळांत चेन्नईच्या हयात रिजेन्सींत लागील्ल्या उज्याची घडणूकेक लागून आयज सुरू जावपाची आशिल्ली चेन्नय ग्रॅण्डमास्टर्स सर्तीची तिसरी आवृत्ती फुडें धुकलली

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुंक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर